गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

**कला आनी संस्कृती खात्याची राज्य पांवड्यावयली**

**माटोळी आनी देखावो सर्त जाहीर**

ता.5 ऑगस्ट 2019

14 श्रावण 1941

कला आनी संस्कृती संचालनालयान राज्य पांवड्यावयली माटोळी आनी देखावो सर्त जाहीर केल्ली आसा. माटोळी सर्त वैयक्तीक कुटुंबाखातीर जाल्यार देखावो सर्त सार्वजनिक गणेश उत्सव मंडळांखातीर आसा.

माटोळी सर्त गणेश चतुर्थी उत्सवाच्या 3 ते 6 व्या दिसा खातीर म्हळ्यार 4 ते 7 सप्टेंबर मेरेन जातली. देखावो सर्त 7 ते 10 दिसाच्या सार्वजनिक गणेश उत्सवा खातीर 7 ते 11 सप्टेंबर जातली.

माटोळी सर्तीखातीर पयले ईनाम-रू.15,000 (पंधरा हजार फकत), दुसरें ईनाम-रू.10,000 (धा हजार फकत), तिसरे ईनाम-रू.7,500 (सात हजार पाचशें फकत), तशेंच रू.5,000(पांच हजार फकत) ची पांच उत्तेजनार्थ ईनामां भेटयतले.

देखावो सर्ती खातीर पयले ईनाम-रू.25,000 (पंचवीस हजार फकत), दुसरें ईनाम-रू.20,000 (वीस हजार फकत), तिसरें ईनाम-रू.15,000 (पंदरा हजार फकत), तशेंच रू.7,000(सात हजार फकत) ची पांच उत्तेजनार्थ ईनामां भेटयतले. सर्तीक फावो आशिल्ली सर्तकांची संख्या उणी आसल्यार ह्यो सर्ती राखीव दवरपाचो वा रद्द करपाचो अधिकार संचालनालया कडेन आसतलो.

ह्या सर्तींचे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी गोंय, रविंद्र भवन- मडगांव, रविंद्र भवन-कुडचडें, रविंद्र भवन-साखळी, रविंद्र भवन-बायणा-वास्को आनी राजीव गांधी कला मंदिर-फोंडें हांगा शुक्रार ता. 5 ऑगस्ट 2019 सावन उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज बुधवार ता. 23 ऑगस्ट 2019 मेरेन कार्यालयीन वेळेंत घेवपा येतले. तरीय संबंदीत व्यक्ती आनी गणेशोत्सव मंडळांनी ह्या सर्तीक दर वर्सा प्रमाणे ह्याय वर्सा व्हड प्रतिसादर दिवचो असो उलो कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन मारला.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/424

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA